Ashirvachana by HH Shrimat Sadyojata Shankarashrama Swamiji at Santacruz on 2nd March 2008

कर्णस्वर्णविलोलकुण्डलधराम्-आपीनवक्षोरुहाम्
मुक्ताहारविभूषणां परिलसद्-धम्मिल्लसम्मल्लिकाम् ।
लीलालोलितलोचनां शशिमुखीम्-आबद्धकाञ्चीस्रजम्
दीव्यन्तीं भुवनेश्वरीमनुदिनं वन्दामहे मातरम् ।।

आनन्दाश्रमशिष्याग्र्यं स्वानन्दाम्बुधिमज्जितम् ।
आनन्दाश्रमिणं वन्दे परिज्ञानाश्रमं गुरुम् ।।
ॐ श्रीगुरुभ्यो नमः
श्रीभवानीशङ्कराय नमः।

मस्त खुशी जात्त आस्स ह्या सगळ्या ११ दिवसीय कार्यक्रमान्तु भाग घेव्नु. विनोदमाम्माने आत्तंचि इत्ली सग्ळी माहिति दिल्लि तुम्कां, कोणे कित्लें कार्य केल्यां, समाजान्तु कश्शि जागृति आय्ल्या. आम्मि तेंचि पोळोनु एक आनन्दाचो अनुभव कर्तातित, गुरुचरणीं सगळे अर्पण कर्तातिति. ११ वरसं जाल्लिं. दोन तीन वरसं कस्ल्याक हांग्गा अयिलिं म्होणु जाल्लेलें. हगूर हगूर त्या शक्तिने धैर्य दीनाफुडे, आस्सो, आत्तं कोर्चेंचि म्होणु तश्शि एक परिस्थिति आशिलि, माग्गेरि कस्लेंयिं संकट आय्ल्यारि सुद्धांयि केवल पार करय्ना गुरुशक्ति, अचिन्त्य शक्ति दित्ता, कस्लेंयिं एक प्रसाद दित्ता म्होणुचि धैर्य आस्का .हें शिक्का पळ्ळें. भक्ति, श्रद्धा आनि निष्ठा दिल्या जाल्यारि दोऽनि विषयांचो त्याग कोर्का गुरुसेवा कर्तना म्होणु, तश्शि एक मार्गदर्शन माक्का मेळ्ळें ....... भय आनि कोपु. काळ्जी कोर्चो अभ्यास आस्स वे ....... आस्सो, तरी सम काळ्जी करी. दु:ख घेव्नु येत्तातित.

उपेक्षा कोर्नाका. आम्मि शक्ति दित्ताति मार्गदर्शन दित्ताति लोकांगल केन्नायिं बरें जात्तलें म्होणु. जाल्यारि उपयुक्त काळजी करी. जाल्यारि भय सोड्का पड्तलें आनि कोपु सोड्का पड्तलोचि. ना जाल्यारि सेवा कोरु जायना. आम्मि केन्नायिं म्हणताति........ कापुरुष ताज्जेमितिं कस्लेंयिं काम जाय्ना. इह आमुषमिक कस्लेंयिं बरे जायना. धैर्य म्हळ्यारि aggressiveness न्हयि. प्रेरणा प्राप्त जाय्नाफुडे पैलें प्रार्थना कोर्का ताज्ज खातिर.

प्राप्त जाय्नाफुडे आश्वस्थ जाव्नु मुखारि वोच्चें एक सामर्थ्य. तें कर्त कर्तना विलक्षण कार्य सिद्ध जात्ता, हीचि एकी गुरु ज्योति पदयात्रा. हान्तु आम्मि पळय्लें व्यवस्था कोर्का पळि. हें कोर्चे म्हळ्यारि कश्शि कोर्चे म्होणु लेक्कुनु, I had to call in the Army. General माम्माक सांग्लें आत्तं तुंवेंचि पोळोंका हो ....... कित्लें गोम्टें कोर्नु केल्लें....... जाल्यारि आम्गलि जी अपेक्षा आशिलि ज्यो काळज्यो आशिल्यो तो निरर्थक सिद्ध जाल्यो. हायवेरी जें अनुशासन आस्का, तें अनुशासन दवर्लें. अनुशासन आशिलें न्हवे?...... कोणे प्रामाणिक एक हो संकेत दिल्लो ?...सग्ळें पोलीस डिपार्टमेन्टसानिं. सात Inspectors माग्गेरि म्हणाले -आम्मि मठान्तु येव्चें आस्स, आम्कां पोळोंचें आस्स.... कस्लेंयिं एक political agenda , मोर्चा जावो नात्तिलें अश्शि लोकानिं कश्शि केल्लें हें?...इत्लें अनुशासन कश्शि?...कोरोनु घेत्त आस्सति. स्वाम्यांगल पादुका व्हर्त आस्सति म्हळ्यारि single file म्होणु सुद्धांयिं वोच्का पणि. Half the highway was cleared, grand कोर्नु , in style वोचुगेलिं सग्ळीं. ताज्जो उल्लेख केल्ला....तुम्मि भागुयि घेत्ला आस्का. So, तश्शि ती गुरुशक्ति कोरोनु दित्ता, राजमार्ग प्रदान कर्ता. जाल्यारि धैर्य आस्का. या कार्यकामान्तुयिं भाग घेंव्च्याक आम्का खुशी जात्त आस्स कल्या

म्हळ्यारि स्वाम्यानिं शान्तपाच्चेक वचन दिल्लेलें " तूं आम्गेलो वैभव पळ्येतली " म्होणु. आत्तं ती पळयत आस्स. कार्ला येत्तना थायि तिक्का चिके त्रास जात्तालो. जाल्यारि शिराली आरामशेरि आइली. हांग्गायि सभेन्तु आयोजित पाल्खी उत्सवान्तु  तिन्ने भाग घेंव्च्याक जाल्ले. मस्त खुशी जात्त आस्स. गुरुंगले सान्निध्य आनि आनि तीव्र रीत्या अनुभव जात्त आस्स हॉचि इत्ल्यान्तु हॉड प्रसादु आम्कां प्राप्त जात्त आस्स. So, द्वितीय तृतीय स्तरारि गुरुंगलें अनुस्मरण जात्ता गुरुंगल अनुग्रहाचो वात्सल्याचोयि अनुभव जात्त आस्स. जाल्यारि लोक आस्सति न्हवे?...... व्यवहार कोर्का पड्ता न्हवे? ...... आत्तं पैलें आयिल तावळी मस्त प्रेम मेळ्ळो व्हयि. आम्का कोणयी कल्लोयी त्रास दीनि मठान्तु जल्यारि आम्मि एक वॉर जोनान्तुंचि आयिलिं where innocent bystanders also get hit . So, तश्शि एक परिस्थिति आशिलि. So, गुरुंनीचि सग्ळी व्यवस्था करय्ली. So, तें भय सोड्चें. माग्गेरी धैर्यपूर्वक मुखारी वोच्चें. कश्शि आव्सु शिकय्ता माग्गेरी बाप्पुसु takes over तश्शि जात्त आस्स. समाजान्तु एक सभ्यता येत्त आस्स कस्लेंयिं सांग्का म्होणु पणा. अनुष्ठानान्तु चड प्रवृति जात्त आस्स म्होणुचि commemoration जात्ता आनि spiritual जात्ता सग्ळें celebration सुद्धायिं. माग्गेरि संकेत आनि मेळू सूरु जाल्ले. कस्लें जाव्चें आस्स ताज्ज पैलें एक आश्वासन, more than expected जाव्चें गुरुंगल अनुग्रहाने. तावळी आश्वस्थ जांव्च्या सूरु जाल्लें मन . हेंचि आम्मि सांग्तालिं. आत्तं १५ तारखेक केन्ना स्वाम्यांगल पादुकांची थयिं प्रतिष्ठा जाल्लि विजृम्भणेन, म्हळ्यारि समाजेने केन्ना परत स्वीकार केल्लं की, व्हयि आनन्दाश्रमस्वाम्यानि जो संकल्प केल्ला ताक्का आम्मि मर्याद दित्ताति आनि माग्गेरि ती एक विलक्षण शक्ति स्वाम्यांगलि, त्या शक्तिने आम्चेरि अनुग्रह कोर्का. आम्मि पात्रता

वाड्डय्याति म्होणु एक प्रार्थना जी केल्ली, तावळी धोर्नु मठान्तु आनि समाजान्तु एक वास्तविक चैतन्य आय्ल्यां. तें गुरुंगल अनुग्रह आम्का प्राप्त जाल्यां. ही आम्गली एक भावना मात्र न्हयि. एकयि विश्वासु मात्र न्हयि अनुभवूचि . म्होणुचि आम्मि सांग्ताति की मर्याद दिंव्च्याक शिक्काति गुरुंक. स्वाम्यागलें जें एक मार्गदर्शन प्राप्त जात्त आस्स, प्रत्येक साधकाक उपलब्ध आस्स, शीघ्र rise to the occasion. करणं सर्वसिद्धीनां चित्तानुसरणं गुरोः इति निश्चित्य सर्वेषु कार्येषु प्रविशार्भक...आण्णालेंचि चित्ताचें चिन्तन or आण्णालेंचि विचार संस्कार घेव्नु मात्र कस्लेंयिं बरें कोरु वचुल्यारि सुद्धायिं contamination येत्ता. So, चिकेचि अनुसंधान कराति गुरुंगल चित्ताचें. विलक्षण सामर्थ्य आस्स, तीं दित्त आस्सती, कोरोनु दाखय्त आस्सती .

पादयात्रे विषय एक सांग्चें आशिलें. एक बरो मनुषू—उपासकु, प्रौढ, स्वाम्यांगल विषयान्तु मस्त आदर आनि दवर्तलो, स्वाम्यांगलि शक्ति, तांगेल महिमेचो पूर्ण अनुभव आशिलो, सारस्वत न्हयि..... ताक्का आम्मि हें intimation card दिल्लें. Intimation card दीनाफुडे तान्ने तें वाच्लें -each letter, each word. He was very happy and he said," Swamiji, (आम्कां address कोर्नु) You have done something wonderful. You have turned the samaj! " आर्तान्तु लोकांक स्वाम्यांगल, परिज्ञानाश्रम स्वाम्यांगल विषयान्तु कळ्ळ आस्स. आम्मि म्हळ्ळें " हांवे कल्लें कर्नी "

No, no, no! That is Your spiritual humility!" म्हणालो .
आत्तं आम्मि सांग्त आस्सति publicly. It is not humility.
वस्तुस्थिति.

तीं कर्त आस्सति. I am just telling you, that is what we have to accept. So, तान्तु एक कल्लि humility म्होणु ना.सर्व आम्मि उद्घोष कर्ताति आम्गल परम्परे विषयक आम्गल गुरुंगल विषय. थयिं आम्मि गर्व दवर्ताति. जाल्यारि खयिं गर्व कोर्च विषय ना थयिं कस्ल्याक गर्व कोर्चो? तींचि कोरोनु घेत्त आस्सति. आम्कां कोळचे पैले सग्ळीं व्ववस्था जात्ता, माग्गेरि आम्कां सूचना मेळ्ता, माग्गेरि आम्मि त्या मार्गारि वत्ताति . पळय्ल्यारि तीं कोरोनु घेत्त आस्सती .तांगेलो एकु संकल्पु, एकी इच्छा समाजाक जे प्राप्त जाव्चें आस्स, तांत्ल्याग्गि थाव्नु तें प्राप्त जांव्का.आम्मि विमुख जाव्नज्ज म्होणु. तें आम्मि स्वीकार केल्ला तांगलो संकल्प म्होणु आम्मि सग्ळीं धन्य. इत्ली एकी विशाल, इत्ली एकी प्रचण्ड शक्ति, ताज्जो अनुभव जाय्नाफुडे नतमस्तक जात्ताचि, तान्तु कस्लि humility म्होणु ना. धन्य आम्मि की तें आम्मि स्वीकार केल्लें. ताज्जो अनुभव जात्त आस्स. म्होणुचि कालि आयोजित केल्लेल कार्यक्रमान्तु भाग घेव्च्यान्तु बद्द खुशी जाल्लि. विनोदमाम्माने सांग्लें आनि आम्गेल लेक्काने अभिनन्दनयि समर्पण केल्लें तुम्का सग्ळांकयि, कालि एक विलक्षण उत्सव तुम्मि तयार केल्लो । आम्का भाग घेव्च्यान्तु मस्त खूशी जाल्लि. So, अश्शि कार्य जात्त आस्स.

ह्या कार्यान्तु इत्ली नूतनता येत्ता शिक्कुक मस्त मेळ्ता. युवापीढी तयार जात्त आस्स, सज्ज जात्त आस्स. तांचेरि सुमार जवाबदारी येत्त आस्स. Education जाल्लें, नौकरी मेळ्ळी, आम्मि कश्शि भाग घेव्येद मठा कार्यान्तु, म्होणु एक स्वाभिमानाने येत्ताति . एक identification जात्त आस्स. Some base, तें घेव्नु, as responsible citizens they can deal in the world also. So, तेवंयिं जात्त आस्स, तान्तु आम्का मस्त खूशी. आनि कल्लें सांग्चें? हेंच सांग्चें. स्वाम्यांगले अनुसंधान कराति,

प्रार्थना कराति. ताज्जाने कार्य जात्ता. तींचि दित्त आस्सति शक्ति, आनि तुम्मि शिकाति. शिक्कुक शिकाति....न्हयि? उदाहरण दित्ताति आम्मि चेर्डवां सांग्ताति अथवा युवापीढी सांग्ताति interaction कर्तना की गुरु मुखारि आम्मि सग्ळीं चेळडवंचि, तें तुम्कायिं सांग्येद. शिक्का म्हळारि शिक्का. खंची परिस्थिति येनाफुडे एकदम -ऑ, कश्शि, कल्याक-आम्कां म्होण्चो अभ्यासु आशिलो, अनुभव नात्तिलमितिं व्यवहारान्तु .
Lt. Gen. गोकर्ण माम्माने Projects Committee चो Chief Co-ordinator जाय्नाफुडे शिराली येंव्चें, पैलें एक फान्तां मेळ्चें, माग्गेरि ६ दिवस थयिं राब्चे, मेळ्चें ना जाल्यारि, he wouldn't ask for an interview. On the 7th day, he would meet me. माग्गेरि he would start. Last time आम्मि इत्लें सग्ळें discuss केलेल्लें. ह्या फान्ता हावें हें सग्ळें investigate केल्यां check केल्यां.
कस्ल्यो चुक्यो आस्सति की म्होणु पळय्ल्याति. तेद म्हणसरि आम्गेलें blood pressure वाडतालें. अश्शि कश्शि जाल्लें. He would just look up and say," Swamiji, please let me conclude."
" हां जाय्द Okay."
माग्गेरि he would go onto the third section की this is what we have discussed, these are the steps which we can take.
ह्य विषयान्तु दोनि options आस्सति from which Swamiji has to decide.
Systematically विचार, काम केल्लेलो अनुभव आस्स ताक्का, ते अशीचि दोनि वर्सान्तु येना हॉ...जाल्यारि तें पळयनाफुडे आम्का आश्चर्य जात्तालें. ती गुरुशक्तिचि हान्तु कार्य कर्त आस्स. शिक्कुक कल्ल लाज ? So, पैलें चिकेचि थण्ड बोस्चें शिक्का पळ्ळें. तें सग्ळें जाय्नाफुडे आण्णाल opinion दीव्नु options दीव्नु माग्गेरि what does Swamiji have to say... म्हळ्यारि तावळी उल्लोंचें, तित्लो एकु संयमु

हाड्का पळ्ळो. तावळी गुरुंगले प्रेरणा प्राप्तयि जात्तालि. म्होणु सग्ळें कार्य जाल्लें. So, एक उतावळी काळजी कोर्चि बन्द कोरुक शिकोंच्याक सुद्धांयिं गुरुनिं मस्त माध्यम वापरल्यान्ति. हेंचि तांगलें ऐश्वर्य हॉ......प्रत्येक फान्ता दॉळे चिम्मि कोर्नु बोस्का म्होणु ना. दॉळे चिम्मि कोर्नु आण्णाल नित्य अनुष्ठान आनि कोर्का पड्ताचि. जाल्यारि माग्गेरि ती प्रेरणा खयिं ताव्नु दित्ताति आनि कश्शि दित्तलीं, ताज्ज खातरि आम्मि सतर्क आस्का पड्ता. We cannot demand.
हांव ध्यान कर्तना levitate जांव्का माग्गेरि तुम्मि आम्का कस्ली सूचना दिंव्का, तें मात्र हांव ग्रहण कर्ता....तांगल असंख्य शक्त्यो आस्सति, सामर्थ्य आस्स, कश्शि तीं शिकोंच्या तयार आस्सति आम्मि शिक्कुक तयार आस्ल्यारि. ती विनम्रता येत्ता, आनि माग्गेरि कैवल्यसंनिकर्ष जांव्च्याक सूरु जात्ता . तांगेलें ऐश्वर्य, आन्तरिक आनि बाह्य दोन्नि स्तरान्तु अनुभव कोर्चे एक तीं सामर्थ्य दित्ताति. गम्मति येत्ता तान्तु, आनि माग्गेरि सांगाति आस्सति, तेवंयिं आश्वासन दित्ताति. सोणु घाल्नाति. अश्शि आम्मि प्रेमपूर्वक कार्य कोर्यां, सेवा कोर्यां. सेवा कर्तना कित्लि गम्मत येत्ता. आत्त विनोदमामाने म्हळें स्टॅम्पाचे आनि आम्गल NRI लोकानिं केल्लें. आत्त Kulkarnis तुम्का गोत्तस्सति. श्रीवल्ली स्कूलाची सग्ळी व्यवस्था कोर्ची तान्नीचि. ती जवाबदारी घेत्ली. आनि कल्लें कर्त आस्सति तीं ? मुण्डकुरमाम आनि कल्लें कर्त आस्सति? तांगेले backyard आस्त न्हयिं?...थयिं gooseberries, strawberries इत्यादि वोव्नु, ताज्जें jam कोर्नु, nicely bottle कोर्नु विक्ताति. So, school निर्माण केल्या, आनि sale proceeds go to Shri Chitrapur Math. म्हळ्यारि participation जांव्का न्हयिं?!
So, ना ना रूपेण कर्त आस्सति . इत्ल पैश दिल्ले वे, आत्तं जाल्लें आम्गेलें .... ना. भजन म्हणताति, आनि कल्लें कार्य कोर्येद. अश्शि

सुद्धांयिं कार्य कोर्नु participate कोर्येद. तश्शि आम्मि त्या विलक्षण शक्ति सांगाति connect जांव्च्याक तें शक्तिनेचि आम्कां आम्च्यान्तु कार्य कोरु सूरु जांव्का म्हळ्यारि मस्त अश्शि प्रयत्न कोरु जात्ताति. आर्तान्तु latest म्हळ्यारि," Swamiji, You must take rest. मस्त भाग्ल्यान्ति." एक सांग्ताति आम्मि...आम्मि अत्यन्त स्वस्थ आस्सति, surplus जें आश्शिलें, तें चिके क्षीण जाल्यां. तेंवंयिं हगूर हगूर वाड्तलें... surplus न्हयिं...जें वाड्का तें. कल्लेंऽ काळ्जी कोर्का म्होणु ना. बरे लोक सग्ळे कार्याचे, मठाचे administration ,पूर्ण जवाब्दारी घेव्नु कर्त आस्सति, आम्मि निश्चिन्त आस्सति. गुरुंगल अनुसंधानान्तु आनन्दमग्न आस्सति आम्मि. हेंवंयिं शिक्का पळ्ळें. कल्लें जात्ता... तुम्गल जीवनान्तु आस्त न्हयिं...busy आश्शिल्मितिं exercise कोरु जाय्ना. Exercise जाय्ना म्हळ्यारि आनि कल्लें complications जात्ताति. जाल्यारि खंयिं बन्द कोर्का खंयिं सूरु कोर्का म्होणु कळ्ना. आम्गेलीऽ तश्शीचि ही परिस्थिति. शम्बरी लोकांक तीर्थ दिल्यारि, genuinely out of love and concern तान्तुलीं धा पुणि म्हणताति, "स्वाम्यानों, भो दणुलेलवारि दिस्ताति. " आत्तं ताज्जें कल्लें impact जात्ता आम्चेरि?...बहृचि वे म्होणु? So, वग्गी कल्लें कोर्का पड्ता...गुरुस्मरण कोर्का पड्ता. बहृ माक्का दणु जाल्ला वे?...हीं लोक कित्ल वांट काणु हांग्गा आय्ल्यान्ति, तांचे अपेक्षया माक्का कित्ल दणु म्होणु? हें सुद्धांयिं समाजान्तु थाव्नुचि शिक्का पळ्ळे. पैले seriously घेत्तालीं आम्मि. भो दणु जाल्लेलवारि दिस्ताल तावळी बहृ दणु जाल्ला म्हणतालीं. लोक येत्ताले मेळुक. तान्तु एक कुटुम्ब आय्लें...एक दम्पत्ति. तांका आम्मि मेळ्ळीं, बोध दिल्लो, सांग्ले- गायत्री जपु कर्त न्हवे?...व्हयि. Middle aged...गोम्टें कोर्नु आय्कलें प्रसन्न जाव्नु. माग्गेरि तानिं म्हळ्ळें- आम्गेलिं चेळ्ड्वांक हाड्चे

आशिलें. Speak to my secretary...म्हळ्ळें. मेळ्येद...फायि हाड्येद् वे?... हाड्येद्...आय्लीं तीं दुस्र दिवसु. आय्लीं...दोनि चल्ले. 15/16 year olds. तांका आव्सु बापुसु धोर्न हाड्त आस्सति. तांका आण्णालें कस्लें कोरु जाय्ना. एक विचित्र व्याधि आशिल्मिति अग्दी embryonic stage शें. सग्ळें आव्स-बाप्सुने कोर्का. आत्त तांका पळय्नाफडे अस्ली लज्जा आय्ली. त्या दम्पत्ति मुखारि आम्मि - अयो बद्द व्हयि मस्त tensions आस्सति मठ म्हळ्यारि...मस्त काम कोर्का, नीद खळ्का पड्ता म्होणु आम्मि व्यक्त केल्लेलें आस्का, कित्लें दणु जात्ता म्होणु. जाल्यरि तांगेले तोंडारि चिके सुद्धांयिं आम्कां एक लक्षण सुद्धांयिं दिसनीं कित्ली तीं कार्य कर्त आस्सति म्होणु प्रसन्न जाव्नु. तश्शि एक एक फान्ता गुरु शिकय्ताति एक चिकेचि आघात दीव्नु. So, ते दिवस धोर्नु दणु जाल्ला म्होण्चें बन्द केल्लें. मागगेरि वस्तुतः दणु जांव्चो बन्द जाल्लो. आनि गुरुंगल अनुग्रह, आन्नीऽ अनुभवान्तु येंव्च्या सूरु जाल्ले. So, परस्पर आम्मि शिक्का पड्ता. ही प्रचण्ड शक्ति म्हळ्यारि एक व्यक्तिक मात्र कल्कि एक उद्धार कर्तली म्होणु न्हयि...सम्पूर्ण समाजाक उद्धार कर्ता. So, समाजान्तु थाव्नुयि शिक्कु जात्ता, तुम्गेले orientation, दृष्टि सम आस्ल्यारि. दृष्टि कुटिल जाल्लि वे, तावळी सर्वनाश मात्र सिद्ध जात्ता. दृष्टि सम आस्स वे, तरि तुम्कांचि कळ्तलें.

आत्तं मूलस्थाना विषयीं आनि आम्मि कल्लें कर्त आस्सति...हें कल्लें कपट न्हयिं...हें कल्लें मठाक लाभ जांव्का कल्लें आर्थिक म्होणु मात्र न्हयिं. तुम्गेलि पीडा आस्स, तुम्गेलि connection आस्स, एक सात पीडी खयिं पूजा कोर्नु आय्ल्यांति, ताज्जे सम दॅवाक मर्याद दिल्यारि बरेपण जात्ता. हें खयिं थाव्नु शिक्लीं आम्मि?...समाजाक पोळोव्नु. वांट आशिलें वत्तालिं, व्यवस्था कर्तालिं, बरैंऽ जात्तालें. कुटिलता,

दुष्टता, अथवा मस्त बौधिक विचारु, उपासना आनि ना म्होणु जाल्यारि - कल्की बा हॉ नागदोष म्होणु सूरु जाल्या- अश्शि व्यक्त कर्ताति लोक. नागदोष म्होणु सूरु जाय्नी...नागदोष आश्शिलो, तुम्का आत्त कोळुक सूरु जाल्ला आस्का. But, हेंवंयिं तुम्कां गोत्तस्स वे, ताज्ज अर्थ कस्लो म्होणु?...तुम्गलिं म्हाल्गडच्यानिं निधि दवर्ल्या तुम्च खातिर, so access it ...न्हयिं? कस्ली शक्ति, if it is not utilized, not channelised, तावळी corruption जात्ता , it becomes a disease. आम्गेलें रक्तान्तु कस्लें infection जाव्नज्ज म्होणु white blood cells आस्ताति. चड् वाड्ल्यारि cancer म्हणताति. So, तशीचि विचार कोर्नु आत्तं आम्मि मुखारि वोच्का. हें कल्या सांग्का म्हळ्यारि, कल्लोयि निर्णय घेत्त्ल्यारि, कल्ली चूकी आस्ल्यारि, आम्मि सांग्ताति...आनि परिवर्तन हाडु जात्ता. जाल्यारि अनुभव सिद्ध शास्त्रोक्त आनि प्रेरणा मेळ्या,सूचना मेळ्या, तान्तु आम्का मुखार्सुनु वोच्चान्तु कस्लेंयिं भय ना...कोण लाभ घेत्ताति की,घॅवॉति.

आनि कल्लें सांग्चें?...सानसान्न हान्तुंयिं आस्ता. आत्त आम्मि वय्री बशिल्मितिं चिके दिस्ता...कल्ल-कल्लें चल्ता तीर्था वेळारि म्होणु. म्हाल्गडच्यानिं आय्ल्यारि-चम्कूंचाक वांट जात्ता -म्हणताति. So, आम्मि वॉलेन्टियर्सांक सांग्लें -announcements कोर्का म्होणु ना, तुम्मि तुम्गल वॉलेन्टियर्सांक सांगाति. कोणाक चम्कूंचाक आनि वांट जात्ता, अथ्वा एकदम एक जनसमुदाय एक रशांऽथाव्नु आय्ल्यारि palpitations आनि सूरु जात्ताति, तांच्च खातिर व्यवस्था केल्या, तीं खुर्चेरि बस्तलिं. तीर्थ सगळ्यांकयिं दीव्नु जाय्नाफुडे आम्मि वत्ताति आनि तीर्थ दित्ताति. कित्लकी लोकांक मस्त दुःख जाल्लें-" Swamiji, this is very unfair. My mother was not permitted to take teerth." I said, "I am coming there to give her teerth." So, चिके विचार कराति, म्हळ्यारि परिवर्तन हाडु जात्ता. ताज्जाने सगळ्यांक

लाभ आस्स ...न्हयिं?... आनि worst म्हळ्यारि आम्गल वॉलेन्टियर्सांचेरि काड्ताति माग्गेरि लोक. आम्मि तांका सांग्ल्या तश्शि लोकांक थंयिं बस्कारयाति, आम्मि वोचुनु दित्ताति म्होणु. "Your volunteers are very cruel."...So, कोणाल हित, कोणाल बरें, तें पुणि पोळोव्नु माग्गेरि निर्णय घेव्येद. आनि आजि चड् कस्लेयिं बोध विषयक उल्लोंच्चें ना. दोनि दिवसु बरो स्वाध्यायु जाल्लो. गुरुमय जाल्यां सग्ळें वातावरण. स्वाम्यांगेलें चिन्तन, भजन प्रचुर मात्रान्तु जाल्लें. आजि सुद्धांयिं एक तुम्मि प्रस्तुत केल्लेलि, खुशी जाल्लि तें पोळोनु नाटक. मस्त विचार कोर्नु, मस्त brisk नाटक आश्शिलें, आनन्द आय्लो पोळोंच्यान्तु.

आत्त एक भजन कोर्यां...9:35 जाल्या ...धा घण्टचा पैल कोर्कां... माय्क नात्तिल्लें सुद्धांयिं भजन केल्यां...न्हयि?... दोनि-तीनिफान्ता...कित्लि गम्मति आय्ली... माय्क नात्तिल्लें गम्मति आय्ली खंयिं. माय्क ऑफ कोर्यां तरि! खन्च्चें कोर्यां?...पूर्ण, हां हां...आजि सग्ळे कार्यक्रम जाल्ले. आत्त पूर्णकलामयि... पूर्णकलामयि संवित् स्वरूपिणि...

हीचि प्रार्थना कोर्यां गुरुचरणीं. जें एक तान्नि आम्का स्वीकार केल्यां धन्य आम्मि. आत्तं आम्गल बुद्धिन्तु एक प्रकाश येवो. ती दिव्य ज्योति हृदयान्तु प्रकाशित जावो. ज्ञान मोक्ष आम्गेलें लक्ष्य आस्स. त्याचि मार्गारि आम्मि वचशी आम्का मार्गदर्शन मेळो. आनि सांगाति अस्लें कल्लें कार्य कोर्चान्तु जो आनन्द मेळता, तो आनि आनि वाड्डो. प्रशस्त जावो, एक आदर्श जावो समाज. तश्शि एक आम्मि प्रार्थना कर्ताति सग्ळ्यांगले लेक्काने गुरुचरणीं.

नन्दन्तु साधकाः सर्वे  विनश्यन्तु विदूषकाः ।
अवस्था शाम्भवी मेऽस्तु प्रसन्नोऽस्तु गुरुः सदा ।।

सर्वे भवन्तु सुखिनः सर्वे सन्तु निरामयाः ।
सर्वे भद्राणि पश्यन्तु मा कश्चिद् दुःखमाप्नुयात् ।।
ॐ पूर्णमदः पूर्णमिदं पूर्णात्पूर्णमुदच्यते ।
पूर्णस्य पूर्णमादाय पूर्णमेवावशिष्यते ।।
ॐ शान्तिः शान्तिः शान्तिः